प्रादेशिक खबरो

१५.०७.२०२५ @ ७.२०

- आयज पर्वरे मंत्रालयात  खेळांच्या क्लबांक आणि खेळा संघटनांक  अर्थिक मजत  दिवपी धनादेश मुखेल मंत्री प्रमोद सावंत हानी दिले
- कुभांरजुवा सरकारी शाळेच्या वाठारात बांधकामाचो बुनयादी फातर मुखेल मंत्री प्रमोद सावंत हांचे हस्तूकि बसयलो
- गोंय सरकार बेगीनूच 240 भौशीक सेवां ए.आय आदारीत व्हॉट्सॲप चॅटबॉट वरवी दिवपाक सुरू करतलो
- पावसाळी अधिवेशनाच्या फाटभुंयेर आयज  मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणा खाला भाजपा आनी युती आमदारांची बसका जाली

रश्मी 240

गोंयाक खेळाचें केंद्र करपाची मोख मतीत दवरुन गोंय सरकारान खेळामळार बरी साधन सुविदा, खेळगड्यांक बरे प्रशिक्षण दिंवन आंतरराश्ट्रीय तशेंच राश्ट्रीय पावंड्यावेले खेळगडे तयार करपाचे काम नेटान सुरु केला.काणकोण ते पेडणे मेरेन गोंय सराकरान विकसित केल्लया मैदानचो उपेग खेळगड्यांच्या कवायतींखातीर करुन बरे प्रशिक्षित कुशळ खेळगडे गोयच्या  संघटनानी तशेंच क्लबांनी तयार करचे अशे आवाहन तांणी केला. तशेंच 2036 जावपी ओलंम्पिकात गोंयतले बरे खेळगडे वचुन गोयचे नांव परजळीत करपाक जाय असा तयारीक लागात अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. BYTE CM OLYMPIC

आयज पर्वरे मंत्रालयात  22 खेळांच्या क्लबांक सरकारान 27 लाख चार 74 हजार जाल्यार 9 खेळा संघटनांक 2 कोटी 14 लाख 13 हजार 950 रुपयाची अर्थिक मजत दिवपी धनादेश दिले. बायट CHQ

शारापुरतीच न्ही जाल्यार गांवगिऱ्या वाठारातले खेळगड्याक खेळां संघटनांनी माची दिवची, सध्या गोयांत गोडे मुताचे दुयेस वाडटा , हे कित्याक जाल्यार आताची 50

टक्के पिळगी ही मोबायल फोनाच्य विळख्यात सापडल्या. खेळा मळ फकत शारीरीकुच न्ही जाल्यार मानसिक रित्या मनशांक घटमुट करता, ताका लागुन खेळामळाक व्हड महत्व आसा अशें ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा. गोयातली बरीचशी मैदाना उपेगाविणे पडुन आसात ताचो उपेग करात अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान केला. BYTE YOUTH

ह्यावेळार गोंय ओलंम्पिक संघटनेचे सचिव गुरुदत्त भक्ता हांणी खेळगड्यांक खेळा सर्तींक वयतना दितात त्या प्रवासी भत्यात वाड करची ,तशेंच संघटनांची थकीत बिला निकालात काडची अशी मागणी केल्या.

पर्वरे मंत्रालयात जाल्या ह्य कार्यावळीक , आमदार संकल्प आमोणकार, तशेंच युवा आनी खेळा संचालक दोतोर .गीता नागवेकार, खेळा सचिव संतोश शुखदेव तशेचं हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.
इतलेमजगती आयज जर्मनी जावपी ओरगन ट्रान्सप्लानंट् खेलासर्रती वाटेकार जावपाक वयपी उमेश ढवळीकार हांका गोंय सराकरान तीन लाख रुपयाची मजत दिल्या..

रश्मी 160
घटमुट भलयकी आनी वेगेवगळ्या विशयात प्रशिक्षित आशिल्ले विद्यार्थी तयार करपाची मोख राज्य सरकारान दवरला. खेळा मैदाना आसुये ना जाल्यार शारारीर रित्या घटमुट दवरपी हेर साधन सुविदा उबारपाक सरकार महत्व दिता.हे शिवाय विदयार्थ्यांक शाळांनी वेगेवगळ्या विशयाचे प्रशिक्षण दिवन तांका प्रशिक्षित करपाची मोख सराकरान दवरला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते कुभांरजुवा सरकारी शाळेच्या वाठारात इन्डोअर हॉल तशेंच जिमनेशियम मैदानाचे बांधकामाचो बुनयादी फातर बसयल्या उपरांत आयोजित शासकीय कार्यावळीत उलयताले. BYTE CUMB GROUND
३ कोटी ३१ लाख रुपया खर्च करुन हे काम पुराय जातले.जाल्यार फुडल्या चवथीची परब येवच्या पयली बांधकाम पुराय जातले अशे मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला.

ह्याफुडे कुंभारजुवा मतदारसंघातली वेगवेगळी उदरगतीची कामा येता त्या दोन वर्साभितर पुराय जातली अशे आस्वान ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान कुंभारजूवेकारांक दिला. ह्यावेळार कुंभारजुवेचे आमदार राजेश फळदेसाय, प्रियोळ मतदारसंगाचे आमदार गोविंद गावडे, शाळेचे वेवस्थापन, पालक शिक्षक तशेंच विद्यार्थी हाजीर आशिल्ले.
युवक हो शारीरीक रित्या घटमुट आनी प्रशिक्षित आसपाक जाय अशे तानी म्हणले
BYTE CM SKILL
विकसीत भारताचे ध्येय साध्य करताना भुरग्यानी उपलब्ध संधीचो लाव घेवचो असो उलो तानी मारलो BYTE CM विकसित

रश्मी 50
गोंय सरकार बेगीनूच 240 भौशीक सेवां ए.आय आदारीत व्हॉट्सअॅप चॅटबॉट वरवी दिवपाक सुरू करतलो. ह्या चॅटबॉटाच्या आधारान नागरिकांक व्हॉट्सअॅपा वरवीं थेट प्रमाणपत्रां आनी हेर कागदपत्रां मेळोवपाक सोंपें जातलें अशें आयटी मंत्री रोहन खंवटे हांणी सांगले. ही सुविधा सुरु जातकच नागरीकांक राबीतो दाखलो, डायव्रजन्स सर्टीफीकेट, तशेंच हेर दाखले ऑनलायन माध्यमातल्यान उपलब्ध जातले. अशे मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला.

महेश/गणेश 110
पावसाळी अधिवेशनात येवपी प्रस्न आनी विधेयकांविशी आमदार तशेच मंत्र्यांक मार्गदर्शन करपा खातीर पावसाळी अधिवेशनाच्या फाटभुंयेर आयज पणजेच्या एका हॉटेलांत मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणा खाला भाजपा आनी युती आमदारांची बसका जाली.अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली. गोंय विधानसभेचें पावसाळी अधिवेशन २१ जुलय ते ८ ऑगस्ट ह्या काळांत जातलें.

बसकेक सरकाराक फाटबळ दिवपी आमदार डॉ. चंद्रकांत शेट्ये आनी आंतोन वाझ हजर आशिल्ले. मगोचे फुडारी आनी वीजमंत्री सुदिन ढवळीकार हे गोंयां भायर आशिल्ल्यान बसकेक हजर रावपाक शकले नात..कायदोमंत्री अलेक्स सिक्वेरा

बसकेक हजर नाशिल्ले. तांची प्रकृती सुधारिल्ल्यान अधिवेशना खातीर सभाघरांत ते निश्चीतपणान हजर आसतले, अशें दामू नायक हांणी म्हणलें.
राज्यपालांच्या अभिभाशणाचेर ह्यान पयलींच चर्चा जाल्ल्यान फाटल्या वर्सा परस ३ दीस उणे केल्यात अशें दामू नायक हांणी म्हणलें BYTE दामू

सुभाष 40
केंद्र सरकारच्या एक जिल्लो एक उत्पादन येवजणेखाला उत्तर गोंय जिल्ह्या खातीर पणस आनी दक्षिण गोंय जिल्ह्या खातीर नाल्ल म्हूण निश्चित जाले उपरांत ह्या मळार आता प्रक्रिया प्रकल्प उबे रावंक लागल्यात. ह्या संस्थेचे अध्यक्ष डॉ. दत्ताराम देसाय ह्या प्रकल्पा विशी माहिती दिली बायट - दत्ताराम देसाय

सुशांत 20
कुंकळ्ळीच्या लोकांनी कुंकळ्ळीच्या चिफटन्स मेमोरियल थळाचेर आयज कुंकळ्ळीच्या १६ महानायकांनी केल्ल्या पराक्रमांचो ४२२ वो स्मृतिदिस मनोवपाच्या कार्यावळीत फळदेसाय हे मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले.